Panaji

राष्ट्रीय खबरो

१८.०४.२०२६ @ 6.30

आज संसदेची दोनुय सभाघरां अनिश्चित काळा खातीर तहकूब केली. यासयत,या वर्सा २८ जानेवारीक सुरू जाले संसदेचे अर्थसंकल्पीय अधिवेश सोपले. लोकसभेतल्या आपल्या समारोपीय भाषणात, सभापती ओम बिरलनी अर्थसंकल्पीय अधिवेशना वेळार सभा घरान ९३ टक्के कार्यक्षमता नोंदयल्याचे अधोरेखित केले. सभागृहाची एकूण ३१ अधिवेशना जाली. अधिवेशना वेळार बारा सरकारी विधेयकां सादर केली आणि नऊ विधेयका मंजूर जाली. हातुंत वित्त विधेयक २०२६, दिवाळखोरी आणि नादारी संहिता (सुधारणा) विधेयक, २०२५, आंध्र प्रदेश पुनर्रचना (सुधारणा) विधेयक, २०२६, जन विश्वास (तरतुदीं सुधारणा) विधेयक, २०२६ आणि केंद्रीय सशस्त्र पोलीस दल (सामान्य प्रशासन) विधेयक, २०२६ आसपावता अशे बिर्ला हांणी सांगले

राज्यसभेत आपल्या समारोपीय भाषणात अध्यक्ष आनी उपराष्टपती सी. पी. राधाकृष्णन हांणी म्हणाले की, सभागृहाचे कामकाज एकूण १५७ वरापरस चड तेप चलले आणि या अधिवेशनाची उत्पादकता सुमार ११० टक्के आशिल्ली. तांणी म्हणले की, संसदेच्या तीन अधिवेशनांपैकी अर्थसंकल्पीय अधिवेशनाक अग्रस्थान आसा कारण ते फक्त तिनय अधिवेशनांमदी सगळयात व्हडच न्ही , तर राष्ट्राच्या विकासाची दिशा थारावपातुय सगळयात महत्त्वाचे आसा अशे तांणी म्हळे.

लोकसभा आणि विधानसभेत बायलां खातीर एक-तृतीयांश आरक्षण लागू करपाच्या उद्देशान हाडिल्ले संविधान (एकशे एकतीसावी दुरुस्ती) विधेयक लोकसभेत मंजूर जावंक शकले ना. लोकसभेत उपस्थित आशिल्या एकूण ५२८ सदस्यांपैकी, या विधेयकाक ३५२ मतांचे दोन-तृतीयांश बहुमत मेळपाक शकलेना. विधेयकावेल्या मतदाना वेळार, २९८ खासदारांनी विधेयकाच्या वटेन आणि २३० खासदारांनी विरोधात मतदान केले. लोकसभा अध्यक्ष ओम बिरला यांनी मतदानाचो निकाल जाहीर करताना सांगले की, विधेयक मंजूर जावपाक आवश्यक बहुमत मेळुंक नाशिल्यान या कायद्यार मुखार वचप शक्य ना. विरोधी आघाडीचेर टीका करताना गृहमंत्री अमित शाह हांणी म्हणले की, बायलांक हक्क दिवपाच्या निर्णयांत विरोधकांनी सदाच

माघार घेतल्या आनी सगळया विशयात तांचो विरोधुच आसता.गृहमंत्र्यांनी विधेयक अयशस्वी जाल्याची खोस मनोवपी विरोधी पक्षांचेर टीका केली.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज रातीं 8.30 वरांचेर राष्ट्राक उदेद्शून उलोवप करतले. बायलां आरक्षण दुरुस्ती विधेयक लोकसभेंत संमत जावपाक जाय आशिल्लें दोन तृतियांश भोवमत मेळोवंक अपेस आयिल्ल्याच्या फाटभूयेर हे उलोवप आसा

आज जगभरात जागतिक दायज दिस मनयतात.हो दिस सांस्कृतिक आणि सैमिक दायजाची विविधता, असुरक्षितता आणि महत्त्व याबद्दल जागरूकता वाडयता. उपराष्ट्रपती सी. पी. राधाकृष्णन यांनी आज जागतिक दायज दिसानिमित्त शुभेच्छा दिल्यात. भारताचे समृद्ध सांस्कृतिक आणि सैमिक दायज देशाच्या सभ्यतेची खोलाय विविधता आणि चिरस्थायी मूल्यांचो पुरावा आसा अशे तांणी म्हळां.

आयपीएल क्रिकेटांत हैदराबादच्या राजीव गांधी आंतरराष्ट्रीय स्टेडियमांत सनरायझर्स हैदराबाद आनी चेन्नई सुपर किंग्स आनी चेन्नय सुपर किंग्स संघा आड खेळटलो. सांजवेळा 7:30 वरांचेर मॅच सुरू जातली.

भारतीय हवामान खात्यान आयज मध्य प्रदेश, छत्तीसगड, महाराष्ट्र, ओडिशा, रायलासीमा आनी तेलंगना हांगा उश्णतायेच्या  ल्हारांचो अदमास दिला.

आकाशवाणी पणजी न्यूज रीडर-कम-ट्रान्सलेटर  ह्या तात्पुरत्या कराराचेर अर्ज मागयता.उमेदवार पदवीधर आसप गरजेचें.पीराय 21 ते 50 वर्सां मजगतीं आसची.कोंकणी भाशेचें बरें गिन्यान आसचें  तशेंच इंग्लीश-कोंकणी आनी कोंकणी-इंग्लीश अणकार  करपाची कुशळताय,प्रसारणाखातीर योग्य आवाज आस्पाक जाय .निवड प्रक्रिया लेखी परीक्षा आनी मुलाखत अशा दोन पांवड्यार जातली.

अर्ज  करपाक निमणी तारीख आसा 17 मे 2026.